Regional 28th May 7.20 pm

भारतीय नौदळ , नाविका सागर परिक्रमा दोनच्या यशस्वी भोंवडेरआशिल्या लेफ्टनंट कमांडर रुपा ए आनी लेफ्टनंट कमांडर दिलना के हांच्या फुडारपणाखाल आयएनएसव्ही तारिनीच्या पंगडाक फाल्या येवकार दिवपाक तयार रावला . आयएनएसव्ही तारिनी फाल्या 29 मे दिसा गोंयांत पावतली . आयएनएसव्ही तारिनीन चार खंड, तीन खंड समुद्र आणि तीन ग्रेट केप खंडांतल्यान 25,400 नॅनोमीटरांचो आठ

म्हयन्यांचो प्रवास पुराय केला . 2 ऑक्टोबर 2024 दिसा गोंयच्यान सुरू जाल्ली ही भोंवडी भारताच्या
दर्यावेल्या भावनांचें आनी नारी शक्ती कडेन आशिल्ल्या वचनबद्धतेचें प्रतीक आसा. संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग मुरगाव बंदरांत जावपी सुवाळ्याची येजमानकी चलयतले .

हे मोहिमे वेळार अधिकार्यनि वादळ, चक्रीवादळ आनी घातकी ड्रेक पॅसेज हांकां धाडसान फुडो करीत फ्रीमॅटल, लिटलटन, पोर्ट स्टॅनली आनी केप टाउन हया सुवतांचेर ते थांबले.

तांच्या प्रवासाक आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार मान्यताय मेळ्ळी आनी बायलांचे सशक्तीकरण आनी दर्यावेल्या उत्कृश्टतायेचे दीपस्तंभ म्हूण काम केलें.

अस्तंत ऑस्ट्रेलियन संसदेत तांचो खाशेलो भोवमान केलो. हे मोहिमेत ताणी संरक्षण मंत्री आनी नौदळाच्या मुखेल्या कडेन संवाद सादलो आनी संवसारभरांतल्या लोकांक उर्ब दिली. ही इतिहासीक मोहीम भारताच्या नौदल दायजांतली एक अभिमानाची गजाल आसा जी अधिकाऱ्यांच्या धैय, लवचीकपण आनी वेवसायीकपणाचेर भर दिता.

71

एकुच घर मात विभक्त कुटुंबा रावपी आसत जाल्यार तांका आता वेगळो वेगळो घर नंबर दीवप शक्य जातले.हे वीशी आयज पंचायत संचालनालयान परीपत्रक काडला .सोमारच्यान ही सोय सगळ्यापंचियतीनी उपलब्ध जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोराप्रमोद सावंत हांणी मंत्रीमंडळाच्या बसके उपरांत पर्वरे सचीवालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार दीला. नगरपालीका वाठारातल्या नागरीकांक लेगीत कांय दीसानी ही सुवीधा उपलब्ध जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या. तशेंच98% पंचायतीनी घर दुरूस्ती करपाक 3 दीसाभीतर परवानो दील्यात अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या.

Rashmi 65

फाल्या राश्टीय पावंड्याचेर विकास कृशी संकल्प येवजण चालीक लागता. दील्लीत केंद्रीय शेतकी मंत्री शीवराज सिंह चव्हाण ह्या येवजणेक फाल्या launch करतले. जाल्यार गोयात उत्तर गोंयात आमोणा जाल्यार दक्षीण गोंयात लेगीत ही येवजण सरकार फाल्या launch करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या,12 जुन मेरेन ही कार्यावळ चलतली.जाल्यार icar चे तज्ञ scientist शेतकारांक बीयाणे,पिकावळ हे वीशी मार्गदर्शन करतले.गोयांत शेतकी मळाक उर्बा दीवपाक ही येवजण महत्वाची थारतली अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा

Rashmi  80

30 मे गोंय 39 वे घटक राज्य दीस मनयता. हे फांटभुयेर पणजे कला अकादमीत 10.30 वराचेर शासकीय कार्यावळ आयोजीत केला.ह्यावेळार उरील्ल्या सुटके झुजाऱ्याच्या भुरग्यांक सरकारी शीरवीशीत नेमणुक करपाची पत्रा दीवप,बरे काम करपी 5 म्हामंडळाचे भौमान करप,गोंयाक फामाद करपी 10 वेवसायीक उद्देजक आनी brand housचो भौमान करप,गोयच्यादेवळाची म्हायती दीवपी coffee table book launch,मुखेलमंत्री सावंत हांच्या 6 वर्साच्या कार्यकाळात केल्ल्या कामाचो नियाळ दीवपी reforms book launch करप तशेंच गोंय 100 % साक्षर राज्य म्हण घोशणा सरकार करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या

अर्थीक वेव्हार मंत्रीमंडळ समितीन 2025-26 वर्साच्या विपणन हंगामातचवदा खरीफ पिकांखातीर किमान आधारभूत मोल (एमएसपी)वाडोवपाक मान्यताय दिल्या. शेतकारांक तांच्या उत्पादनाक फावो तेंमोल मेळचें हे खातीर सरकारान एमएसपी वाडयलां आशे नवी दिल्लींतप्रसार माध्यमांक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी
वैष्णव हांणी सांगलें.

सुटकेझुजारी विनायक दामोदर सावरकर हांच्या जयंती निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज तांकां आरगा ओपली. सावरकर हाणी स्वातंत्र्य चळवळींत दिल्ले मोलादीक योगदान तांचे धैर्य आनी संघर्श राष्ट्र केन्नाच विसरूंक शकना अशें अशें प्रधानमंत्रीनि सोशल मिडिया पोस्टावरवी म्हणलां.

Dip १८०

**राज्यपालांची दक्षीण गोंयांत 'खुशाल कल्याण यात्रा'**

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आपल्या खुशाल कल्याण यात्रेच्या तिसऱ्या फेरीत आयज दक्षीण गोंयांतल्या पाच धार्मिक थळांक भेट दिली. राज्यपालान सकाळी बाळ्ळीच्या श्री शांतादुर्गा बाळ्ळीकरीण देवस्थानाक भेट दिवन आपल्या यात्रेक सुरवात केली. ह्या वेळार विरोधी फुडारी श्री. युरी आलेमाव आनी आमदार श्री. एल्टन डिकॉस्ता हांणी राज्यपालाक येवकार दिलो. राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई आनी गोंयच्यो प्रथम महिला श्रीमती रिता श्रीधरन पिल्लई हांणी श्री शांतादुर्गा बाळ्ळीकरीण देवस्थानात प्रार्थना केली.ह्या वेळार श्री शांतादुर्गा बाळ्ळीकरीण देवस्थान समिती वतीन शाल, श्रीफळ आनी यादस्तीक भेटोवन राज्यपालाचो सत्कार केलो. राज्यपालान देवस्थान समितीक 50,000/- रूपयांचो धनादेश भेटयलो. उपरांत राज्यपालान माशे लोलयेच्या श्री निराकार देवस्थानाक भेट दिली. गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. रमेश तवडकर हांणी राज्यपालाक येवकार दिलो..राज्यपालान माशे लोलयेच्या माणो-शोभा कला घराकय भेट दिली. श्री. संदेश प्रभूदेसाय हांणी राज्यपालाक कला घराच्या कार्याविशी म्हायती करून दिली. पैंगीण हांगाच्या हुतात्मा स्मारक आनी 800 वर्सां पुरातन श्री बेताळ देवस्थानाक भेट दिली. दनपारच्या सत्रात राज्यपालान कुंकळ्ळीच्या झमातुल सुन्नी झामिया मशिदीक भेट दिली.उपरांत राज्यपालान कुंकळ्ळी हांगाच्या अवर लेडी ऑफ हेल्थ चर्चीक भेट दिली. राज्यपाल आपल्या खुशाल कल्याण यात्रेत धार्मिक थळांक भेट दिवन गोंय आनी देशातल्या लोकांमदी शांतिकाय, खुशालकाय आनी कल्याणा खातीर प्रार्थना करतात.

Jawdekar 95

सरकाराच्या मुफत आयव्हीएफ उपचार येवजणेचो लाव घेतिल्ले एके बायलेन तीन भुरग्यांक जल्म दिला. ते बायले सयत तिगांय भुरग्यांची भलायकी स्थीर आशिल्ल्यान आयव्हीएफ केंद्राचें हें व्हड येस आशिल्ल्याचें भलायकी मंत्री विश्वजित राणे हांणी म्हणलें. आयव्हीएफ पद्धतीन जल्मल्ल्या भुरग्यांक टेस्ट ट्यूब बेबी अशेंय म्हणटात. बायलेक आवयपण दिवपी ही आगळी वेगळी उपचाराची पद्धत जावन आसा. सिजेरीयना पयलीं बोवाळाची स्थिती आसून लेगीत दोतोरांनी येसस्वी शस्त्रक्रीया केली. जल्मल्ल्या चल्याचें वजन २.३२ किलो जाल्यार दोन चलां १.७७ आनी १.५२५ किलो वजनाच्यो आसात. भुरगीं नाशिल्ल्यान जांचे जिणेंत ताण आसता तांचे खातीर आशेचो किरण आयव्हीएफ येवजणेक लागून निर्माण जाल्ल्याचें भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हणलें.

Jaan 95

गोंय विद्यापीठान २०२५-२६ वर्साखातीरच्या जीयू-आर्ट म्हळयार प्रवेश क्रमवारी परीक्षेचे दुसऱ्या फेरयचे  वेळापत्रक जाहीर केला. पयल्या फेरयेत प्रवेश प्रक्रिया पुराय जावन कांय सुवाती रित्यो उरील्ल्यान ही प्रक्रिया सुरू केल्या अशे गोंय विद्यापीठाचे कुलसचीव एस. एन. धुरी हांणी कळीत केला. जीयू-आर्ट दुसरी फेरी नोंदणी प्रक्रिया २७ मे सावन सुरू जाल्या. ६ जून मेरेन इत्सूक पात्र विद्यार्थी नोंदणी करुक शकतात.गोंय विद्यापिठ आनी संबंदीत म्हाविद्यालयांनी आशील्ल्या वेगवेगळ्या पदव्युत्तर कार्यावळींनी प्रवेश मेळोवपा खातीर दुसरी फेरी सुरू जाल्या. इत्सूक उमेदवारांनी सगळ्या तपशीलां खातीर गोंय विद्यापिठाच्या www.unigoa.ac.in संकेतथळार भेट दिवची अशे विद्यापीठान मांगला. दुसरे फेरयेच्यो परीक्षा १२ आनी १३ जून २०२५ दीसा जातल्यो.

भारतिय हवामान खात्यान फाल्यां उत्तराखंड, बिहार, छत्तीसगड,आंध्र प्रदेश, झारखंड, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, विदर्भात चडपावस पडपाची शक्यताय imdn उक्तायला .इतले मज्ति  आयज सकाळ सावन दिसभर पावसच्यो द्ड्क्यो राज्यात शिवर्अल्यात आयज आनि फाल्यांगोंयत चडपावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायला. ते खातिर हवामान खात्यान आयज आनि फाल्यां पावसा खातिर येल्लोव अलेर्त जारि केला फुदल्या चार दिसात राज्यात मध्य् म पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान  उक्तायला.

भारतच्या कनिश्ट बायलां हॉकीं पंगडान शूटआउटांत फेरयेत यजमान आर्जेन्टिनाचेर 2आड 0 अशे जैत जोडले